# नाविकांक कळोवणी

## मांडवी न्हंयत रायबंदर- चोडण जेटी मजगती पेंवपा सर्तीचें आयोजन

ता. 9 मे 2025

प्रायम एडव्हर्टायजिंग/शायनी पिपल हांणी ता. 11 मे 2025 दिसा मांडवी न्हंयत रायबंदर-चोडण जेटी मजगती सकाळी 10.00 ते 10.30 वरां मजगती पेंवपा सर्त आयोजीत केल्या. ते खातीर मांडवी न्हंयत वयल्या सुवाती मजगतीच्या उदका मार्ग क्षेत्रातल्यान येरादारी करपी सगळ्यों बार्जी, प्रवासी लाँची, क्रुईज बोटी, उदकाखेळ बोटी, पनेळ, फेरीबोटीं, नुस्तेमारी बोटीं, आनी हेर यांत्रिकीं आनी बिनयांत्रिकीं नाविकांनी पेंवपा सर्तीक कसलीच आडखळ येवची न्हय म्हुण वयल्या काळांत बारीक नदर दवरून, सवकसायेन येरादारी करची आनी गरज पडली जाल्यार सुरक्षीत अंतराचेर थांबचे. तशेंच गस्तीचेर आशिल्ल्या बोटीवयल्यान तांबडो बावटो दाखोवन दिवपात येवपी सुचोवण्यांक पाळो दिवचो, अशें कॅप्टन ऑफ पोर्टस् खात्यान कळीत केला.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/471

--
----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.